**मे म्हयन्यांचो रेशन कोटा**

पणजी, एप्रील 18, 2020

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा अधिनेम 2013 खाला अंत्योदय अन्न योजना आनी प्राधान्य कुटुंब (एएवाय आनी पीएचएच), टायड ओव्हर (टी.ओ.), अन्नपुर्णा (एएनपी) आनी कल्याण संस्था योजनेच्या रेशन कार्ड धारकांक आनी राज्यातल्या लाबार्थ्यांक 2020 मे म्हयन्याच्या रेशन कोटा विशी म्हायती दिली.

अंत्योदय अन्न योजना (एएवाय) अंतर्गत कार्ड धारकांक प्रत्येकी 35 किलो तांदूळ प्रति कार्ड 3 रू. दरान दितले तर प्राधान्य कुटुंब (पीएचएच) अंतर्गत 5 किलो तांदूळ दरेका लाबार्थ्यांक 3 रू. किलो दरान दितले.

त्याच प्रमाणे गरिबी रेशे वरील (एएवाय) कार्ड धारकांक 8 किलो तांदूळ प्रति कार्ड 12.50 रुपये प्रति किलो दरान आनी 4 किलो गंव प्रति कार्ड 10 रुपये प्रति किलो दरान दितले. अन्नपूर्णा (एएनपी) कार्ड धारकां खातीर 10 किलो तांदूळ निशुल्क दितले.

तशेंच, कल्याण संस्था योजने अंतर्गत 15 किलो तांदूळ दरेका रहिवाशांक प्रति 6.15 रुपये प्रति किलो दरान आनी 15 किलो गंव दरेका रहिवाशांक प्रति 4.80 रुपये प्रति किलो दरा प्रमाणे दितले.

स्वस्त धान्य दुकानांच्या मालकांक विनंती केल्या की तांणी आपलो कोटा बेगीन घेवचो आनी तांका मंजूर जाल्लो कोटा 30 एप्रील 2020 दिसा वा तांचे पयली घेवचो. कोटा घेवपा खातीर मुदतवाढ दिवचेना. रेशन कार्डधारकांनी मे 2020 चो धान्य कोटा तांच्या संबंधित स्वस्त धान्य दुकानातल्यान घेवचो.

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA